**कोयराची समस्या सोडोवपा खातीर पंचायत मंडळांनी अदीक सक्रिय जावपाची गरज- मुख्यमंत्री**

ता. 12 फेब्रुवारी 2025

राज्यांतली कोयराची समस्या सोडोवपा खातीर पंचायत मंडळांनी अदीक सक्रिय जावपाची गरज आसा. पंचायत मंडळांनी गांवच्या लोकांच्या सहकार्यान आपल्या वाठारांतल्या कोयराचो प्रस्न सोडोवपाक आवश्यक उपाय करपाक जाय, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज मये मतदारसंघात पाच म्हत्वाच्या प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर बसयले उपरांत उलयतना सांगलें.

योग्य आनी नियोजीत पद्दतीन कोयराचो व्हिलो लावन गांवचो वाठार नितळ आनी हरीत दवरून निरोगी पर्यावरण राखपा खातीर गांवच्या लोकांनीय हातभार लावपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. कृशी धोरणाचो उल्लेख करून मुख्यमंत्र्यान सरकार शेतकारांच्या कल्याणा खातीर काम करता अशें सांगून शेतकारांनी कृशी लागवड वाडोवपाचो उलो मारलो. सरकार शेतकारांच्या फायद्या खातीर अनेक अनुदान येवजण्यांची अंमलबजावणी करता, तशेंच सेंद्रीय कृशी लागवडीक प्रोत्साहन दिता, अशें सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान आयज मये आनी मावळींगे-कुडचीरे वाठारांत भुंयगत वीज केबल घालपाच्या कामाची सुरवात केली. तशेंच मये हांगा तळ्याची सुदारणा, वायंगिणी मये हांगा खाजन बांद आनी मानशेच्या गेटीची दुरूस्ती आनी श्री विठ्ठल मंदीराच्या सुशोभिकरण कामाची सुरवात केली.

मये मतदारसंघाचें आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट हांणी सरकार शेतकारांच्या कल्याणा खातीर अनेक येवजण्यांची अंमलबजावणी करता अशें सांगून शेतकारांनी अशां येवजण्यांचो लाव घेवन आपली शेत जमीन लागवडी खाला हाडपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीचें अध्यक्ष श्री. शंकर चोडणकर, जिल्हा पंचायत सदस्य महेश सावंत, मये मतदारसंघातल्या ग्रामपंचायतीचें सरपंच आनी पंच वांगडी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/137

--
---------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.